# 11 ते 17 ऑगस्ट मेरेन स्वतंत्रताय सप्तक

ता. 12 जुलय 2022

आझादी का अमृत महोत्सवाच्या (AKAM) राष्ट्रीय अंमलबजावणी समितीन (एनआयसी) पुराय राष्ट्राखातीर अभिमानाचे प्रतीक आशिल्ल्या आनी देशभक्ती आनी आदराची भावना निर्माण करपी भारतीय राष्ट्रीय बावट्याचो आदर करपा खातीर 'हर घर तिरंगा' नावाच्या उपक्रमाक मान्यताय दिल्या. ह्या उपक्रमाचो एक भाग म्हूण लोकांक आपल्या घरांनी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवपाक प्रोत्साहित करपात येतले. लोकांच्या मनात देशभक्तीची भावना जागृत करप ही ह्या उपक्रमाफाटली संकल्पना आसा.

ह्या मोहिमेक लागून सर्वसामान्य लोकांक आझादी का अमृत महोत्सव सुवाळ्यात सहभागी जावपाची आनी देशाखातीर अभिमान बाळगूपाची संद मेळटली. 11 ते 17 ऑगस्ट 2022 ह्या काळात 'स्वतंत्रताय सप्तक' मजगती प्रत्येक घरात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/459

-

-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji